# Panaji regional news 07.06.2025,, 7.20pm

**प्रधानमंत्री**

भारतीय शेतकारांच्या कल्याणा खातीर सरकाराची वचनबद्धताय प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज परतून पुष्टी केली. केंद्रांतलें एनडीए सरकार 11 वर्सां काम पुराय करता तेन्ना देशांतल्या कश्ट करपी शेतकारांची सेवा करप सरकाराक एक सौभाग्य आसा अशें श्री मोदी हांणी सांगलें.फाटल्या 11 वर्सां सावन वेगवेगळ्या सरकाराच्या उपक्रमांक लागून शेतकारांक समृध्दी वाडल्या आनी शेतकी क्षेत्रांत एकंदर रुपांतर जावपाचीय खात्री जाल्या अशें प्रधानमंत्री हांणी उक्तायलें. मातयेची भलायकी आनी शिंपणावळ ह्या सारक्या प्रस्नांचेर सरकारान लक्ष केंद्रीत केलां आनी ताचो व्हड फायदो जाला अशें तांणी सांगलें. शेतकारांच्या कल्याणा खातीर सरकाराचे यत्न फुडल्या काळांत चड उर्बेन चालू उरतले अशें श्री मोदी हांणी सांगलें.

**पेम्मासानी**

केंद्रीय ग्रामीण विकास आणि दळणवळण राज्यमंत्री डॉ. चंद्रशेखर पेम्मासानी हाणी आज गोंयचे येरादारी आनी पंचायती राज मंत्री मौवीन गोदीन्हो हांच्या बरोबर गोयांतल्या वेग वेगळ्या विकास स्थळांक भेट दिली आणि शाश्वत पायाभूत सुविधा आणि नागरिक-केंद्रित सेवांबद्दल राज्याच्या एकात्मिक दृष्टिकोनाचे कौतुक केले. तशेंच देशांतल्या पयल्या प्रकारच्या अत्याधुनीक ऑल इन वन सांडपाणी आनी कोयर प्रक्रिया प्रकल्पाचेय डॉ.चंद्रशेखर हाणी निरीक्षण केले. डॉ.चंद्रसेखर, हांणी वीज, वायू, निवळ उदक, आनी रिसायकल केल्लीं सामग्री तयार करपा खातीर सुको, ओलो, आनी सैनिटरी कोयर वेवस्थापन करपाच्या मळार केल्ल्या नवनिर्माणा खातीर हे सुविधेची तोखणाय केली. आंध्र प्रदेशात अशा तरेचे मॉडेल आपणावपाक तांणी रुची दाखयली.

तशेंच डॉ.चंद्रसेखर हाणी उपजिल्हो हॉस्पिटल, जॉगर्स पार्क, आनी वाडेम तळयाक भेट दिली आनी थंय तांणी निवळ, आधुनीक भलायकी सुविधा आनी नागरिकांक मेळपी पाचव्या भौशीक सुवातांची तोखणाय केली.

## भलायकी  मंत्री विस्वजीत

गोंय वैजकीय  म्हाविद्यालयाचे चीफ  मेडीकल ओफीसराक  गैरवर्तवणुक केल्ले खातीर भलायकी  मंत्री विस्वजीत राणे हांणी आयज  निलंबित केलो. दोतोरान दुयेतींक उपचार दितना  मनीसपणान वागोंवक जाय,  तांचेकडेन गर्वान सापाता सांगुन उलोवपाक जायना अशे ह्यावेळरा  मंत्री विस्वजीत राणे हांणी संबंधित दोतोराक सांगले.  संबंधित दोतोरान दुयेतींकडे गैरवर्तवणुक केल्याची म्हायती मेळतकच आयज भलायीक मंत्री विश्वजीत राणे हांणी गोंय  वैजकीय  म्हाविद्यालयाच्या हॉस्पिटलांत अचित भेट दिवन हॉस्पिटलाच्या कामकाजाची पळोवणी केली.  त्या  वेळारुच संबंधित दोतोराक  तांच्या गैरवागणुकेक लागुन 2 वर्साखातीर मंत्री विश्जीत राणे हांणी निलंबित केला. दोतोर रुद्रश हांचेर भलायीक खात्यान चैकशी बसयतलो अशीय म्हायती  ह्यावेळार मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिल्या.जाल्यार  गोमेकॉ उपरांत वास्को चिखले च्या मुळाव्या भलायकी केंद्राक  मंत्री विश्वजीत राणे हांणी भेट दिली. हांगा किडणी उपचाराच्या विभागात डायलेसिस दुयेंतीखातीर 10 नवे बेड घालपाचो निर्णय ह्यावेळार  मंत्री राणे हांणी घेतला. तशेचं चिखले भलायकी केंद्रात  दुयेतींचे प्राण वाडत आशिल्यान केज्युलटी वोर्डात आनीक दोतोर नेमपाचो निर्णय ह्यावेळार तांणी घेतला.

## कोंकणी अकादेमीन

गोवा कोंकणी अकादेमीन २०२५ ते -२०२८ ह्या तीन वर्सांच्या काळाखातीर आपलें नवें सर्वसाधारण मंडळ घडोवपाची प्रक्रिया सुरू केल्या.अकादेमीच्या घटने प्रमाण कोंकणी भास, कोंकणी साहित्य आनी संस्कृतीक मळार कार्य करपी ६ संस्थांक अकादेमीच्या मंडळाचेर प्रतिनिधीत्व दिवपाची तजवीज आसा.हे विशीं कोंकणी खातीर कार्य करपी, कायदेशीर रितीन नोंद जाल्ल्या आनी अकादेमीच्या सर्वसाधारण मंडळाच्या प्रतिनिधीत्वा खातीर इत्सूक आशिल्ल्या गोंयांतल्या संस्थांनी आपल्या फाटल्या पांच वर्सांच्या कामाच्या अहवाला सयत ता. ११/ ०६/ २०२५ मेरेन आपले अर्ज अकादेमीक धाडून दिवचे अशें अकादेमीन जाहीर केलां.हे विशीं अदिक म्हायती खातीर इत्सुकांनी अकादेमीच्यो अधिकारी मारिया वाझ हिका संपर्क करचो असो उलो अकादेमीच्या सचिवान मारला.

## संकल्प से सिद्धि

मोदी सरकाराक 11 वरसा जाल्या निमतान गोंय माहिती आनी प्रसिद्धी खात्या वतीन संकल्प से सिद्धि ही कार्यावळ णव जुनाक सकाळच्या साडे धा वरांचेर राजीव गांधी कला मंदिर फोंडया आयोजित केल्या. मुखेल सोयरे मुखेल मंत्री दो प्रमोद सावंत आसतले तर मानाचे सोयरे म्हन केंद्रीय ऊर्जा आनी नवीन आनी शाश्वत ऊर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नाईक आसतले.

## 2 तारिणी

हालीच INS तारिणी वेल्यान पुराय जग भोवंडी करपी भारतीय नौदळाची दोन बायल लेफ्टनंट कमांडर दिलना के आणि रूपा ए ही पयली भारतीय बायलो थारली. तांच्या ईतिहासिक यशाची यशोगाथा सांगपी आकाशवाणीच्या खबरा विभागाची खासा कार्यावळ तुमका आयकुक मेळतली 105.4 मेगाहर्ट्स एफ एम रेनबोचेर 7 जुनाक रातच्या णव वरा 15 मिनटाचेर.

## गोंय विद्यापीठान

गोंय विद्यापीठान जैवतंत्रज्ञान विभाग, केंद्रीय विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्रालय पुरस्कृत “Technology Development and Bioprocess Engineering of Agro-Industrial and Single use Polyethylene waste to biodegradable Polyhydroxyalkanoates by Halophilic Micro organisms” ह्या विशया वयल्या संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपाक एका ज्युनियर संशोधन वांगडी पदाच्या सुवाते खातीर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयल्यात प्रकल्पाचो कार्यकाळ तीन वर्सां आसून म्हयन्याक 37,000/- रूपया शिश्यवृत्ती पालव आनी 5920/- रूपया (16 टक्के घरभाडे भत्तो) दितले.संशोधन वांगडी पदाखातीर गोंय विद्यापीठ आदारीत उमेदवारा कडेन CSIR-UGC NET वा GATE पात्रताये सयत सुक्ष्मजीवशास्त्र/सागरी सुक्ष्मजीवशास्त्र/जैवतंत्रज्ञान/जैवरसायन शास्त्रात एमएससी पात्रताय आसपाक जाय. मुलाखत 24 जून 2025 दिसा सकाळी 10.00 वराचेर गोंय विद्यापीठाच्या सुक्ष्मजीवशास्त्र विभागात जातली.इत्सुक आनी पात्र उमेदवारांनी आपलो अर्ज, सीव्ही आनी दाखल्यांच्यो

प्रती मुखेल संशोधक डॉ. भक्ती बी. साळगांवकर, सुक्ष्मजीवशास्त्र विभाग, SBSB, गोंय विद्यापीठ, ताळगांव पठार, गोंय-403206. हांका धाडचे.